ोनी व्यथा
मेश वेलुस्कार

K. Gokuldas Prabhu,
CORPORATION BANK
No 250 Brough Road,
ERODE - 638001

22-9-1982

मोनी व्यथा

(नवलिका)

बरोवपी

रमेश वेळुस्कार

जाग प्रकाशन

जाग प्रकाशन : १७

पयलें उजवाडावप : जून १९७६
शणै गोंयबाब जल्म शताब्दी वर्स प्रकाशन : १

© रमेश वेळुस्कार

मोल ४ रुपया

उजवाडावपी :
सुमन्त रामचन्द्र केळेकार
जाग प्रकाशन
प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय

छापपी :
य. गो. जोशी
आनन्द मुद्रणालय
१५२३, सदाशिव,
पुणे-३०.

मळबाचो ध्यास घेतलेल्या

दादीच्या

सरयेवयल्या शेवण्याक

१

घरांत सगळो लोक न्हिदला सुस्त.

म्हाकां झ्येम येयना. कशींच येयना.

म्हज्या भोंवतणी जें जग दिसता तें, तें काळखाचें जग.

हांगा उजवाड ना. पूण उजवाडाची गरजूय आसा अशें दिसना. दिसोंक जाय आसलेल्यो गजाली ह्याय काळखांत लख्ख दिसतात.

तूं दिसता तुज्या अनंत कळांच्या म्होंवाळ्यांत. ह्यो कळा म्हाका तुवें केन्नाच दाखयल्यो नात. ह्यो... ह्यो सगळ्यो हांवें हेरलेल्यो. ह्यो सगळ्यो हांवें रेखलेल्यो.

म्हाकां दिसतात तुजीं नामेजलीं चित्रां.

म्हाकां आयकपाक येतात तुजीं अर्थ कळ्ळेलीं उतरां आनी तरिकूय समजूं नाशिल्ली भास.

तुजी समजूं नाशिल्ली भास. खूप खोल खोल. जितलो हांव तितूंत चड खोलायेंत वयतां तितली ती चड गूढ आनी चड लागिची अशी दिसपाक लागता.

हे येदे व्हडे रातीं तुका न्हीद लागल्या आसतली !

घडये जायत. घडये म्हज्याच भशेन तूंय जागें आसत.

मार्था !

हं...

ये, तूं येदे रातचें हांगा कशें ?

हांव वचूं ?

तशें न्हू.

हांव आयल्यार तुका राग येता ?

केन्नाच ना. पूण ह्या काळखाच्या अटंग रानांतल्यान तूं आयलें कशें हेंच म्हाका समजना.

सांगतां. हो तुजो हात म्हज्या हातांत दी. म्हाकां घट्ट धरपाक जाय. म्हाकां हांगा येवपाक कितलो तरी वेळ लागलो. तोमेरेन ह्या हाताक आधार दिवपी कांयच नासलें...दी...असो...असो...म्हाकां हो हात असो घट्ट धरपाक जाय...हं...आतां सांग, तूं येदो वेळ जागत कित्याक रावलो ?

तुका इयेम भियेता.

म्हणचे ?

म्हणचे तूं फुडयांत आसतकूच इयेम पयस पळटा. ये, हांसूं नाका.

आनी देखुनच म्हाकां हांगा येवचें पडटा.

मार्था

ऊं...धवल...

मार्था...

दुसऱ्या दिसा आईन म्हाकां विचाल्लें, "आरे, तूं रातीं कोणाकडेन उलयतालो ?"

हांव फकत हांसलों.

२

काम्पाल : चिल्ड्रनस् पार्क.

गोंयच्या राजपाटणांतली बाग. थंयच्या एका बांकार आमी.

हांव आनी तो.

आमच्या मुखार रेंवेचो पाट...ही रेंव वाऱ्याच्या पावलांनी फुर्र चलता.

ताच्या फाटीं मांडवीच्या व्हांवत्या उदकाचो निळोच लखलखतो पाट... त्या फाटीं दोंगराची कड....आमच्या मुखार रेजमार्ग. मातशें दोंगराचें भितर गेल्लें मोडण...आनी परत भायर सरत्या तोंकार आग्वाद. दोंगोर सोंपलो...ते कुशीक दर्या...

दोंगरा फाटीं मळब...

हांगा कॅजुरिनाच्या झाडांचो आवाज सळसळटा.

शेवण्याचे जोमे येतात. भुर्र करून खंयच्या खंय शिंपडटात.

बागेंत जायतो लोक येता...

चले, चलयो, भुरगीं, दादले, बायलो.

आमच्या फाटल्यान पाचवेंच लॉन आसा. मातशें पयस लॉन पाचवेंच व्हड बरेंच. लॉनाभोंवतणी तणाची मॅट. पाचवी–तांबशी पूण मॅचींग.

त्या लॉनार एक चली बसल्या. तांबडेच साडयेन. हळडुवोच गुलाब कशें तिचें तोंड. लॉनार दोन भुरगीं खेळटात लॉन माडुीत...

आमी येवन बरोच वगत जाला. आमी कांयच उलोवंक ना.

सदांच कितें उलोवंक जाय ?

सदांच कित्याक उलोवंक जाय ?

साडेसातांचो पातळ काळोख झिरझिरतालो...

आमी या.

आमी उठले.

फेरिबोटीचो धको येयलो. हांगा आदीं खूप गर्दी जाताली. पूल नासलो तेन्ना.

बरें येतां ...!

बरें ... तो सायकलीर बसोन गेलो.

एक मोनी सांज ...

एक रंग झडलेली सांज.

त्या रंगांत पानां झडलेल्या, उबंत झाडावरी सांज.

३

हांव बसलां. भायर एकटोच.

भोंवतणचो संवसार : दुरीग, माडं, आंबे, पणस, घरां-गांवठी नळ्यांची, सुलच्या नळ्यांची-खोंपी चुड्टांच्यो, वाली-तण... कावाते...सगळेंच....

हांव ल्हवूच दोळे धांकतां.

काळोख...म्हणजे कांयच दिसना. तशें हळडुवशें, तांबडेशें अशेंय कितें तरी... तरी कितल्याशाच वस्तुंची जाग आसा. आवाज खोलयांचो, आवाज झाडांचो, कोंबयांच्या कुलकुलाचो, उमळटल्यांच्या फातरींवेल्या फारांचो, रस्त्यावयल्या गाडयांचो, म्हज्या उस्वासांचो.

म्हज्या हातीर आंब्याचें पान पडलें. ताचो स्पर्श. ताचो दिखाळ वास.

स्पर्श.

आवाज.

दिश्ट.

बास.

उजवाड.

जग : सृश्ट !

आरे, तूं च्या घेयना ? आत्याचो आवाज.

म्हजें हांसप. म्हजें थांबप. म्हजें उठप.... म्हजें चलप... वाऱ्याचें कातरप. भायलें जग विसरप... परत बसप, च्या घेवप... तें परत भायर वचसर....

४

लग्नाचो प्रस्न कटकटिचो सामको.

म्हज्या वांगडचे खूबशे आमीग लग्न जाले. म्हज्याकूय व्हडले. म्हज्या-कूय ल्हान. यशवंत म्हज्या परस व्हडलो. बाकिचे सोनू, शरद, जॉन सगळे ल्हानच. आनिकूय जायते. म्हज्या वांगडच्या चलयांक दोन दोन, तीन तीन भुरगीं आसात. कांय जाणांक चडूच. हांव आजून शिकतां हे तांकां अजाप दिसता. तांणीं शिकप मदींच सोडून धांव माल्ल्या आनी त्या भायर—हांव आजूनय शाळेंत शिकयतां. शाळेंतूच आसां. तांकां आनीक अजाप दिसता; अजाप हांव लग्न जायनासना उल्लां हाचें. तांकां आनीक दिसता कि हांव खूप जाण्टो जालां आनी म्हाकां आतां चलयो मेळच्यो नात. अजापांचें जग. म्हाकांय अजाप दिसता. म्हज्याय हातांत जर म्हजेंच भुरगें आसतें तर... तर... अजाप दिसता...

लग्न जावपाचें कारण कितें आसता ?

लग्न जावपाची उमेद आनी व्हंकलेची लग्न जावपाची तयारी.

लग्न न जावपाचें कारण कितें आसता ?

लग्न न जावपाची उमेद आनी लग्न अडपा सारकीं हेर कारणां.

पयर म्हजो आमीग मॅथ्यू आनी मार्था येयलें. मॅथ्यूचें काजार आसलें. तो काजाराक सांगपाक येयल्लो. मार्थाक म्हजी कांय बुकां जाय आसलीं. मॅथ्यू आमंत्रण दिवन गेलो. मार्था रावलें.

मार्था, तुज्या ऑफिसांतलो गायड.

ताचें कितें जालें ?

कोण पळय तो... हां... हय... विजय पेडणेकार.

हां हय, बरो तो, गायडींग बरें करता.

पयर म्हाकां एक टुरीस्ट गावलो. ताणें म्हाका सांगलें कि विजय बरें गायडींग करता म्हूण. ताणें म्हाकां विजयाक रकाद दी म्हूण सांगलां.

बरें बाबा. हो रकाद दिवचोच पडटलो. जाणा मरे....

कितें ?

तो क्रिस्तांव चलयेलागीं लग्न जालां.

एकदम बरें. म्हाकां खूप बरें दिसलें.

हय ? कित्याक रे बाबा... ?

म्हाकां दिसता कि क्रिस्तांव, हिंदू अशे भेद आसूंक फावना. हें सगळें एक जावपाचो होच एक मार्ग.

अशें जाल्यार तूं कित्याक जायना क्रिस्तावांगेर काजार ?

कितें ? हांव तसोच प्रयत्न करतां गो. तुका कितें दिसता ? तूं पळयता मुगो एक चली ? ये, तूं लजूं नाका, हांव तुजेकडेन काजार जायना.

आनी जालो म्हूण कितें जाता ? हांव कितें इतलें वायट दिसता काय कितें ?

वायट न्हू गो.

ताणें म्हजो हात धल्लो. घट्ट धल्लो-चेपलो... हावेंय... दोळ्यांत

मिर्गाचो दुबाव... जाल्लो.

मार्था, भियेवंक नाका. तुज्या काजाराचें म्हजेर पावलें. पिशें. घे हीं पुस्तकां.

धवल....

हां... कितें...?

ही पुस्तकां म्हाका नाका.

हीं पुस्तकां तुका नाका ? हीं पुस्तकां वाचल्यां तुवें ?

ना. हावें वाचूंक ना.

मागीर कित्याक नाका तुका ?

हीं पुस्तकां म्हजेकडेन वाचूंक जावचीं ना.

कशें कित्याक म्हणटा तूं ?

ह्याय आदीं तुजेकडल्यान व्हेल्लीं खूबशीं पुस्तकां हावें वाचूंक ना.

कितें... वाचूंक ना.... अशें कितें ?

खूबशीं अर्दी वाचल्यां आनी खूबशीं उकतीं केल्लीं तशींच उल्यां वाचलेबगर.

पूण... अशें कित्याक काय म्हणटां हांव ?

हांव पुस्तकां वाचपाक बसतां... पुस्तक वाचपाक घेतलें म्हणटकूच — एकदोन पानां वाचलीं म्हणटकूच म्हाकां तुजी याद येता. मागीर पाना-पानार तूंच दिसता. एक वेगळीच कादंबरी म्हज्या दोळ्यांमुखार घुंवत रावता आनी उकतें केल्लें पुस्तक थंयच्या थंयच उरता, थंयच उरता.

हं...

मागीर आतांय ही पुस्तकां व्हरोन हांव कितें करूं ? सांग, कितें करूं ?

आं... अशें जाता तुका... पुण म्हाका सांग गो, तुका म्हजी याद जाता न्हू ?

हं....

आनी याद कशी जाता म्हटली तुवें ? फकत पुस्तक उकतें करतकूच न्हू ? आनीक कशी जाता याद ?

हं... अं...

आगो, सांग गो... सांग... सांगना ?

ये... उलय... अशें थरथरता कित्याक....अशें दोळ्यांत दूक कित्याक ? आसूं... सांगना जाल्यार सांगूं नाका.

हांव ताचो हात हातांत घेवन ताका थापटूंक लागलों. आईन मेजार च्या केन्ना हाडून दवल्ली म्हाका कळूंकूच नासलें... हांवें ताका सांगलें च्या घे म्हूण. तें उलयलेंच ना.

ये... च्या घेयना ?

घे मुगो, ना जाल्यार म्हाकां लांवची पडटली तुका.

हांवे सरळ च्याचें कोप उबाल्लें, आनी ताच्या तोंडाक लायलें. ताणे वोंठ चेपून धल्ले.

घे गो...

ताणें तकली हालयली आनी सकलसून म्हजेकडेन पळयलें...तें म्हाकां घे म्हूण सुचयतालें. हांवें कोप तोंडाक लायलें. एक घोट. तें मेटलेल्याच वोंठांनी मुरमुसलें आनी ताणें च्या घेवपाखातीर वोंठ उगडले. हावें कोप ताच्या तोंडाकडेन व्हेलें. म्हाकां वरशें पळयत तें च्या घेवंक लागलें.

'आई भितल्ल्यान पळयताली' मार्थान ल्हवूच सांगलें...

५

इंटर्व्हल जावचो वगत.

भायर काळोख जालो.

आनी आदींच ओतपी पावसांत घोग्यांचो पावस रकूंक लागलो.

तसो शाळेंत काळोख दाट जालो.

भायर निळशेंच जालें. उजळ-निळें, धवें-निळें.

पावसाच्यो धारो मुज्ग लागिल्लेवरी नाचताल्यो. म्हाकां मजाच दिसली.

जनेलांतल्यान वावझड आयली.

म्हज्या आंगार सुपुल्ल्या थेंब्यांचो शिडकाव जालो.

म्हजें शिकवप थांबलेलें. हांवें एका शिकपी भुरग्याक जनेलाचें दार बंद करपाक लायलें.

...भायल्या हुंवाराक कोण आंग दितलो... ?

पुण तितल्याच शिंवरान म्हाकां बरें दिसलें.

दिसतालें कि भायर वचचें... आनी... मस्त मेस्तुचें... पुण... हांव टिचर . बरें दिसचें नासलें.

भितरूच रावलों...

म्हाका खंयतरी आडखळ आसली...

जिवितूय अशेंच...

पावसा भशेन तें झडत आसता.

केन्ना हुंवार करशें... रमा... रमा...

केन्ना... बिरी... बिरी...

केन्ना... शिरी... शिरी...

पुण सगळेच मनीस जिवितांत खंय भिजतात.... ?

सगळेच खंय आपणांत जिवीत जिरोवन... अरसोवन घेतात ?
पावसांत भिजतल्याक सदांच पिशांत काडटात....
पावसांत भिजतल्याक सदांच मस्त्यांत काडटात....
आनी जिवितांतूय भिजतल्याक, जिरयतल्याक...पिशांतूच काडटात...
म्हाका खूप भिजपाचें आसा...
रमा... रमा...
...बिरी... बिरी...

६

आयज दनपारा मार्थांची चीट येयली. हांव घरा नासतनाच. मार्थाची येवची आसली चीट आयजूच येयत हो दुबाव नासलो. तशें कळ्ळयार घराच रावों येतालें. रातचो घरा येयलों तेन्ना धाकटया भावान चीट दिली. जेवणाचो वगत जाल्लो.

सगळे जेवपाक बसलेले. हांव मात चीट वाचता थंयच आसलों. घरांतल्यान 'यो बेगीन' असो साद येयलो.

चीट कोणे फोडली ?

हांवें भावाक रागान पळयलो.

हांवें न्हू अशी ताणे जाप दिली.

विद्या खंय आसा ?

आईन सांगलें तो मडगांवा गेला म्हूण.

चीट. दुसऱ्याली चीट फोडपाक जायना, हे तुमकां खबर ना. तुमकां कशें कळटलें तें ?

तशें चिटयेंत कांयच नासलें.

–तुजी याद येता. तूं आमगेर कित्याक येयना ? तुका रावतां. आमगेर योच यो.

मार्था तुजेंच.

आतां चिटयेंत कांयच ना करें म्हणप ? कितलेंशेंच तर आसलें. चिटयेंत कितें नासलें ? सगळ्या भायर तुजेंच मार्था म्हटल्यार म्हजेंच मार्था आसलें. हें सगळें कितें कमी आसलें ?

दादान जेवता जेवतानाच विचारलें.

तू अंदू येजामीक बसचो ना ?

ना.

कित्याक ?

म्हाका सगळो पेज पेळचो ना. एक म्हणचे शिकवप, शिकप आनी त्याभायर हे सगळे तकलेक नाका आसलेले मनस्ताप सोंसप. म्हज्यान काय हे सोंसपाक जायना. जावचें ना. आनी म्हाकां व्हडलिशी गरज दिसना आतां.

तें चली कोण ?

ते एक क्रिस्तांव चली.

ताणे चिटयेंत कितें बरयलां ?

तुवें वाचलां तें !

हय.

मागीर हांवें सांगपाचें आनी कितें उरलां ? गरज ना.

तूं ताचेर मोग करता ?

हय.

ह्यो गजाली आमकां पचच्यो नात.

कसल्यो गजाली ?

ह्यो असल्यो.

हातूंत कितें चूक आसा ?

आमच्या धर्मांत बसना हें.

तुमकां खबर आसा ?

कितें ?

आमचो पाद्री आसा न्हय. ताका गीता खूब आवडटा.

हय... !

हय, ताचेकडेन गीतेची प्रत आसा. तो ती सदां वाचता. शाणो मनीस तो. गीता आमच्या धर्माचो एक व्हड ग्रंथ. तो ते गीतेचेर प्रेम करता. हें ताचें प्रेम चुकिचें आसूं येता ?

ना.

ताच्या धर्मांत हें बसों येता ?

आनी निमाणे प्रेम म्हणचे कितें ?

म्हज्या मनांत तुमच्या विशीं कितें दिसता, तेंच मूं ? तुमच्या विशीं जें कितें बरें दिसता तेंच मूं ?

हय.

हांव मार्थाचेर मोग करतां. म्हाकां हातूंत कांयच चूक दिसना. हांव ताईचेर प्रेम करता. म्हाकां आईचें प्रेम आसा. हांव तुमचेर सगळ्यांचेर मोग करतां. तसोच हांव मार्थाचोय मोग करतां. मार्थाय म्हजो मनापासून मोग करता.

असलीं जायतीं फकाणां आमी पळयल्यां. निमणो असल्या फकाणांचो रंग वयता.

आसत. तांचो रंग वचतूय.

आमच्या घराण्याक अशें घाणावन घेवपाचें ना म्हाकां.

तशी घाण कोणाची जायना. घाण तो आपल्या आपुणूच करून घेता. मार्थां म्हजेर मोग करता, एक मोगाळ मनीस म्हजेर मोग करता. तें हांव नाकारूंक शकना. तुमी जर म्हजो दुस्वास केलो तर तो हांव ना म्हणूंक शकचों ना. तसोच...मोगाक ह्या असल्या भायल्या धर्माची गरज आसना. गरज आसता मोगाची. हे मनशांक वेगळे करपी धर्म म्हाकां नाका.

हांव कांयच चूक करिना.

हांव कांयच चूक करिना.

७

हय न्हयशी सांजवेळ.
झाडानी भरसल्लो काळोख.
काळखान भरसल्लीं झाडां.
मनशाक अनवळखी करपी काळोख.
मनशाक गडाप करपाचे तयारेक लागपी काळोख.
काळोख.
मनशांय काळोखूच, सांजवेळचो.
हय न्हयसो.

हें सगळें :
पळयत तशें दिसता.

फाटले दोंगुल्ले वयलो माड... तट्ट माड... उजवाडान एकटोच आसता तेन्ना मळब खूप फाटीं आसता, ऊंच आसता. तोच रातचें मळब

[२]

माथ्यार घेता.

दिसत तशें, पळयत तशें, दाखयत तशें...

दोळे उकते आसतना दोळे मळबाक सावरून घेता. पुण बंद जातकू तें.... मळब... अचळय भायर रावता... खरें म्हटल्यार खरें न्हय.. आनी न्हय म्हटल्यार हय... जिवीत हें न्हंये भशेन.

खंयसल्ल्यान तरी भायर सरप...
व्हांवत रावप....
खंयतरी एकठांय जायत रावप...
वाटेक मदीं मदीं जायतें गावता.
गावता तें सगळेंच आमचें न्हय...
गावना तें सगळेंच लोकांचें न्हय...

आनी हें जनेल.
जनेल :
जनेलाभायर जायतो शिरंगार. जनेला भायर.
हांव भितर.
केन्ना केन्नाय हांव जनेलाभायर आनी शिरंगार जनेला भितर.
अशा वेळार दोळयांची कवडुलां कंवचेचीं जातात.
जगता आरपार.
वचत थंय, मेळत थंय आळ-काळ नासतनाच सगळो शिरंगार.
फुलांच फुलां
तरेकतरांचीं : साळकां, गोठलां, धाल, गुलाब, कर्नो, चांफो जायत
दादल्यांच्या, बायलांच्या मुखमळांची.
नदरेची बावली मात उकती आसूंक जायना.
फकत मनाचे दोळे उकते आसल्यार पुरो.

नदरेचे हात लागल्यार मनशाळीं फुलां, फुलां जावन बावतात.
तीं लक्तुबायेचीं.
सदूचे भशेन तांकां पळोंवक जायना.
पळयत रावोंक जायना.
चंवर करपून गेल्लेवरी खंयचे खंय नाच जातात.
चंवर सांबाळपाक खूप कास्तीक.
कितेंच केल्यार परतो सारको जायना.
मनांत आसून लेगीत.

जायते फावट
ह्या जनेला-भायर मार्था आसता...
ह्या जनेला भितर मार्था आसता...
म्हजो म्हाकां वासूय नासत.
इतलें मार्था आसता...

८

हो आउटसायडर कामुचो.

संवसारांतलें सोयरसुतक ताका ना.

विदेही हारशाच्या ओक्लांतल्यान संवसारार नदर मारपी. तितल्याच वेगळेपणान पळोवपी.

ताची आवय भायर पडल्या. काल ना जाल्यार आयज. हें ताका खबर ना. ताका तिचें कांयच ना.

पुण म्हाकां याद जाता ती दिगंबराची. हांव आउटसायडर थंयच धांपतां. दिगंबर इल्लोसो. गोरोपिट्ट. म्हजो कोण तो ?

तो म्हजो कोणसो लागता.

तसो तो कोण जाणा ? म्हज्या सोयऱ्यांचो सोयरो. नातें तशें पयस. खूब पयस. पुण हांव पयस कशें म्हणूं ? म्हाकां तर ताची याद जाता. अशी याद जाता कि ताका एकदम धरचें दिसता. ताचें रडप थांबोवचें दिसता. हांव जाणां तो म्हाकांच रडटालो... हांव वयतां म्हूण ताका रडपाक येतालें, तो म्हाका सांगतालो...

नाका ले भाई... तूं वतूं नाकाले.

आनी म्हाकां तर वचुंकच जाय आसलें. दुसऱ्या दिसा तशेंच गरजेचें काम आसलें. तरी म्हाका वचूं-नाका, वचूं-नाका अशें जातालें. तरी हांव गेलोंच. फाटल्यान खंय ताणें आकांत केलो. जेन्ना हें म्हाकां सांगलें तेन्ना म्हजें काळीज चरचरलें. काळजाचें हें नातें.

हांव आउटसायडर न्हू.

९

बाबा दुयेंत जायत पासून ताणें काम सोडलां. सध्या तो घराच आसता. सगळो भार म्हजेर दवरून. म्हज्या पगाराचे वांटे जाले. जाच्या वांट्याक जें पडटा तें ताचें. हातूंत म्हजी कसली व्हडविकाय ? हांवें भार घेतला म्हणपाचो.

आनिकूय दिसता. म्हजो पगार हांगा पावना. अशे तरेन हांव बी हांकां भार जायना मूं ?

अशेंय दिसता कि हो भार हांवें कित्याक घेवप ?
केन्नाय भार मनार येता.
जाग्याचें जाग्याक.
मठयेचें मठयेक.
शिमेचें शिमेक.
आनी देवचाराचें देवचाराक दिवन हांगा सल्ल्यान धांव मारची !
अशेंय दिसता कि, ना जाल्यार आनींक कोणें घेवप ?
अशेंय दिसता कि हो भार घेयना जाल्यार कितें जातलें ?
कितें जातलें तें निवळ आसा.
लोक कितें म्हणटले काय ?
लोक कितेंय म्हणटात..
तांणी कितेंय म्हणचें; बरें आनी वायटूय.
म्हाकां एकेक दीस असो राग येता !

तें कोणाकूच कळपाचें ना. ना म्हटल्यारूय कळत. पुण जे म्हजेच तरेन जीवन जगतात आनी त्याच वांगडा म्हजे तरेचे विचार करतात तांकांच कळत. सांगनासतनाच.

देखून सांगपाची गरज ना.
म्हणटात कोणा खातीर कांय अडना.
म्हजेखातिरूय तांचें काय अडचें नासलें.

ना म्हटल्यार आसा ते तरेन जगपाचो प्रयत्न तीं करतलींच आसलीं. तसो प्रत्येक जीव तें करताच. म्हाकां अशें दिसोनूय हांवें तशें केलें ना.

आतां
आतां एक खरें कि म्हाकां जाय तें करपाक मेळना.
जायतें म्हणचे कितें ?
जायतें...

हातूंत म्हाकां दिसता तें कितेंय येवं येता.

म्हाकां कितेंय दिसों येता.

चित्रविचित्र गजाली.

असल्या वगतार म्हाकां मार्थाची याद.

पिशें मार्था...

ताणें कितें केलें ह्या संवसारांत येवन ?

कांयच ना. ताका जाय तें कांयच केलें ना ताणें.

घरांत खंय तेंच व्हड. बाकिचे सगळे भाव ल्हान. आनी आवयन संवसारांत उबंत सोडलेले. बापूय जोडपी पुण जाण्टो जाल्लो.

भुरगीं खूब.

आनी जोडकार कोण ना.

आसा ती जोड पावना.

मार्था व्हडलें.

रांदप. सगळ्या भावणांचें करप आनी शिकप...

मार्था यस. यस. सी. जालें.

रोखडीच नोकरी मेळ्ळी.

हावेळ फकत नोकरी करता.

बापायचो संवसार करता.

भावांक वाडयले. शिकयले. आतां एकेक भावभयण घोटरांतल्यान शेवणीं उडोन वयचीं तशीं वचत आसा. मार्थान आपल्या खातीर कांयच केलें ना. कांयच केलें ना म्हटल्यार जायतें केलें. पुण आपणाक जाय तें कांयच केलें ना. मार्थाक आतां गरज आसा दादल्याची. तें हें कोणाक सांगपाक तयार ना. देखुनच ताणें इतलो तेंप सारला नेटान. आनी आतां तें अधीर जालां, अशें म्हाकां दिसपाक लागलां. ताणें तें कोणाकूच सांगोंक ना. पुण म्हाकां तें कळपाक लागलां...

तें तशें चड उलयना.

उलयता तें ताचें तोंड...दोळे...वोंठ.

उलयता ती ताची थरथर हड्डयाची, वोंठांची, पोल्यांची आनी बोटांची.

हीं सगळीं ताच्या सुप्त इत्सेची गवाय दिता. जायत्या फावट हीं ताच्याय परस चड उलोवन वयतात.

तें म्हजेर मोग करता.

तें ताच्या उडलेल्या, उडूं नासलेल्या भावणांचोय मोग करता.

आनी ऑफिसराचे धाकटे चलयेचोय मोग करता.

रस्त्यार कोणूय जर वळखिचो मेळत तर तें फकत हडकिता. ताचेकडेन उलोवपाक तें रावना.

न्हू, तें रस्त्यार उबें रावपाकूच तयार आसना.

रस्त्यार लेगीत रस्त्याक मान दिवन चलता.

हांव मात ताच्या वांगडा खंयूय वयतां.

घडये म्हज्या वांगडा भोंवपाक ताका भिरांत ना अशी दिसता.

मार्थाची म्हाकां काकुळट दिसता.

मार्था आपलें सोडून दुसऱ्याक वोंपलेलें एक जिवीत.

मार्था एक त्याग.

मार्था त्याग, सुवार्थ सोडून फुडें गेल्लें पुण जीण आनी जिणेच्या गरजांचें एक दुख्ख.

मार्था जैतवंत.

मार्था हारलेलें.

मार्था... !

मार्था... ! !

मार्थाक लग्नाची उमेद आसा.

मार्थाक एक बरो घोव गावों...

१०

दार खटखटलें...दारात फ्रॅडी...

हॅलो फ्रॅडी... कसो आसा... ?

ओ. के...धवल...तुका कितें विचारपाक जाय...

धवल; तुका कितें विचारपाक जा...य. फ्रॅडी, हांव समजलों कितें विचारपाक जाय तें तुकां. आरे तुकां मार्थाची खबर जाय मरे ?

हय...

फ्रॅडी, तूं सगळें जाणा आसलो...तरी तुवें म्हाकां केन्नाच विचाल्लें ना. आयजूच तुका हें विचारिनशें दिसलें ?

ना वोगींच...

अशें जांवच नजो...हांव तुका वळखतां फ्री मांयडेड म्हूण...हें म्हाकां तूं विचारिना...हें तुकां कोणतरी विचारपाक लायता...सांग रे म्हाकां, इतलो तेंप आमी वांगडा भोंवतात...तुका केन्ना म्हजो दुबाव येयलो ?

ना...

मागीर आजूच सो हो दुबाव ?

तूं म्हणटा ते सारकें धवल...म्हाकां खूब जाण विचारतात...ते म्हणटात हांव सगळें जाणां म्हण...आनी म्हाकां तर कितेंच खबर ना... म्हटलें आयज तुका विचारचेंच...हांवें एकदम विचाल्लें म्हूण तुका राग येयना मरे... ?

आनीक कोणेय विचारलेलें जाल्यार राग येवपाचोच. कित्याक तर तांचीं मनांच म्हेळीं जाल्लीं आसतात विचारताना...तुजें मन तशें ना हें हांव जाणां....लोक जो बोवाळ करतात तितूंत कांयच अर्थ ना हाची जाण धर

तूं मार्थाक वळखना ?

वळखतां…

तें केन्ना चड उलयता… ?

ना…उतराक…उतर…अशें तेचें वागप…

तें फकत चड उलयता तें म्हजेकडेन….ताका जें कितें दिसता तें
कत ताणें म्हाकां सांगलां. हातूंत ताचे वायट बरे विचार येयल्या…
ामी एकामेकांचीं फकाणां केल्यांत…एकामेकांचो मोग केला…हांवूय हें
शें सारकें सांगतां तेन्ना खरोच दुबाव येता आसतलो कोणाकूय…असल्या
ुबावाचें हातूंत कांयच ना…

तूं जेन्ना अशें सांगता…तेन्ना म्हाकांय कितेशेंच दिसता…खूप
ामेंटीकशें…तुमी दोगांयनी जिविताची शीम हुपल्या ?

ना…

तसो विचार बी तुमचे तकलेंत केन्ना येयल्लो… ?

विचारांपासून तो पयस आसना…अशें म्हाकां दिसता…म्हजेय मतींत
सले विचार येतात…पूण एक वस्त तुका सांगची पडटली…केन्ना केन्ना
ार्थीक मेळपाचे म्हाका वेध लागताले ..केन्ना केन्ना तेकाय लागताले…
ानी मार्थाचें बाबतींत म्हजें मन ह्या विचाराचेर केन्नाच वचूंक…ना…

मार्थाविशीं तुका कितें दिसता…. ?

मार्था म्हाकां तरी म्हजें दिसता…

धवल…

कितें ?

वयतां हांव…धवल…कण्णम लोकांनी तुमच्या मोगाचेर उलोवंचें न्हू
शें म्हाकां दिसता…बरें, हांव येंव… ?

आरे…राव रे…कितें तरी पियपाक हाडटां तुकां. ह्या उलोवपाच्या
ारार थंयच उल्लें.

११

आमचें गोय सुपुल्लें. हांगा वेळो खूप...

गोयांत नाटकी लोक खूप... अशें म्हटल्यार तांकां राग येवपाची शक्यता ना. गोयांत नाटक पोसता... तें नाटकांचें कुळार अशें म्हणपाक जाय... ना जाल्यार... गोंय खावपाक येत...

म्हाका पार्ट कर म्हणोन जायत्या फावट सांगतात. पुण केन्नाच जमलें ना. एक केल्लो पार्ट, कित्याक काय म्हटल्यार नाटक तिकेटिंनी लायिल्लें. पार्ट करपाक खर्च नासलो.

उत्सवांतल्या नाटकांक पदरमोड करतलो कोण ?

तशी सदचींच नाटकां करतां, कितलिशींच. अभिनयासयत तीं करचीं पडटात. नाटकांत अभिनय केलो जाल्यार कोणूय फाट थोपट्टा. पुण ह्या नाटकांनी ताणे इतलो बरो अभिनय केला म्हूण कळत जाल्यार फाट फुटपाची चड शक्यता आसता.

म्हजीं हीं नाटकां असलीं.... असलें संवसारावेल्या खंयच्याय मनशाक येतलें. पुण ताका कलाकार म्हणनात.

हांगा कित्याक कितें म्हणचें तें कळना.

खरें कितें आनी फट कितें...

१२

लाइफ रुटीन चल्लां. वाज येता.

सकाळीं उठप. च्या-पाणी. मागीर धंदो. जें कितें आसा तें. हांव
ाळेंत शिकयतां.
इंटर्व्हल जालो कि हॉटेलांत वचून घेतां वा दितां. तर केन्ना फक्त
ल्लोवपूच जाता.
परतो क्लास सुरू जाता.
शाळा सुद्दा.
घरा येवप... आनी जेवप.... जमल्यार मातशें न्हिदप. सांजचें पासयेक
चप. रात करून घरा येवप.
जेवप... न्हिदप... त्या पयलीं फायचो अभ्यास दोळ्यांसकल घालप...
दिसता.
ह्या जीवनांत बदल जांवचो ना.
हांगा नव्या जिवितान येवंचें. सगळो वाज ना जांवचो.
म्हटल्यार जुस्त कितें जांवचें ?
म्हाका जाय आसलेल्यो,
नाका आसलेल्यो,
सगळ्यो गजाली हांगा आसच्यो.
ह्या जीवनांत मनशान एकटो आसूंक फावना. ताका सांगात जाय
आसता. जाय आसलेल्या वस्तूंत हें येता जावंये...

१३

मायाचे दीस आसले. एक दीस कळंगुटे गेलों. बीट कॉन्टेस्ट आसलो.
हांव खुपच बेगीन गेल्ल्यान दनपारा थंयच जेवलों. दोन जाल्या उपरान्त

लोकांच्यो झुण्डी येवपाक लागल्यो. एक सरळ रस्त्यान, एक बागांतल्यान, एक सिक्वेरीच्यान. मुयांच्यो वळी कशो. थांबनासतना. रंगीत लोक. सांजेचीं णव-धा. लोक येयत आसलो. रेंव कसो लोक... सगळ्या तरांचो लोक. सगळ्या भेसांचो लोक.

सर...

एके चलयेचो आवाज. हावें फाटीं वळोन पळयलें. लिडिया. तें म्हज्या फाटल्यान उबें आसलें. घाऱ्या दोळ्यांचें. सडसडीत आंगाचें. म्हजें कांय वर्सां फाटलें स्टुडंट आनी आतांचें टिचर.

सर, तूं एकटोच येयला ?

हय.

सर, कितें लोक न्हू ?

हय. तूं हांगाच रावता ?

हय.... लागींच. सर येता आमगेर ?

हांगासर ही इतकी उमेद, मजा, उबां आसताना...

सर, आमचें घर दर्याक तोंड करून आसा. लागींच...

घरा कोण आसा ?

कोण ना.

मागीर आसूं तर...

ना सर... तूं योच... इतल्या लागीं पावोन तूं येयना ?

तुका बीट आयकपाचो ना ?

सर, हो सगळो लोक बीट आयकपाक येता म्हूण जाणा तूं ? बीट हे एक निमित्त... त्या निमतानूच येवप हांगा... सर... या न्हू ?

तें म्हज्या हाताक धरून ओडूंक लागलें.... आमी तागेर गेलीं. घराची चावी ताचेचकडेन आसली. हांव सोफार बसलों. तें भितर गेलें आनी येताना एक कोंकणी पुस्तक घेवन येयलें.

सर, आतां हांव पुस्तक वाचतां.

व्हेरी गुड... तुवें कितलीं पुस्तकां वाचलीं ?

खूप सर...तुकाच लागोन हांव इतलीं पुस्तकां वाचूंक पावलें. सर, स्टिरीओ लांव ?

लाय.

संगीत सुरू जालें... मस्त अशें.... म्हाकां संगिताची गरज आसली अशें दिसलें.

सर, कितें घेतलो ?

कितें म्हणचे ? कितेंय. तूं दिता तें.

हॉट ?

ना.

बियर ?

हाड.

ताणे बियर उकती केली आनी एक ग्लास भल्लो...

आनीक एक भर गो.

सर...

घे गो तूं... म्हाका कंपनी दिंवचें ना ? तशें जाल्यार म्हाकां नाका.

बरें सर, हो पळय भल्लो ग्लास.

चिअर्स...

चिअर्स...

स्टिरिओ नेटार

तूं आजून कोंकणी शिकयता लिडिया...?

हय... आमी आनीक एक टिचर घेतल्या... तें हिंदू... सर, तुका तुवें चीट बरयल्ली फाटल्या म्हयन्यांत. तुवें म्हाकां जाप बरोंवक ना.

सॉरी !

सर, इंग्लेजान आमकां सॉरी हें उतर दिवन साप वायट केलें...कितेंय करतकूच सॉरी अशें म्हटलें कि काम जाता...

बरें... बे...

आसूं सर आतां. तुवें म्हज्या दोन चिटयांच्यो जापो दिल्यो नात. दुसऱ्या फावट अशें जांवक उपकारना...

ओ... के

सर.... म्युजीक... सर, तुका नाचपाक येयना ?

अं... ना...

सर आमी नाचोंया...

म्हाकां नाचपाक येयना.

तें उठलें. म्हाका उठयलो... हांवें हातांतलो ग्लास दवल्लो.

हांव तुका शिकयतां....नाचप एकदम सोपें, पयलीं आमी सोप्पो डान्स करूंया.

दोगांयचे हात एकामेकांक गुंथताले.

ताची तकली म्हज्या खांदार सावशेली...

पावलांची चमकण सुरू जाली...

दोगांयनी एकामेकांक गुलाबाचें फूल धल्लेल्या भशेन अचळय धल्लेलें.

सर...

म्हज्या खांद्याक उस्वासांची हुनसाण जाणवली.

सर...

कितें... अं... ?

ओन्ली अ किस...

आं...

सर... आमच्यो कुडी एकामेकांचे कुशींत सावशेंल्या. वोंठ वोंठांक मेळ्ळ्यार कितें जातलें ?

खूप बरें जातलें अशें दिसता तुका ?

या

ओ. के...

भायर बरोच काळोख जाल्लो.

बियर सोंपलेली.

आमी या ?

या.

आमी परत दर्या देगेर आयलीं. लोक अजून फुटोंक नासलो. लोकांची गर्दी आनीक वाडली. आमी येवन रेंवेर बसलीं. हांगा इतको वगत कितें चल्लां कोणाक खबर...

सर....

हं !

आयज बीट कॉन्टेस्ट.

आयचो बीट कॉन्टेस्ट म्हळ्यार कितें ते कांयच कळचेंना.

कळटलो... एकदम बरो.

आं एकदम बरो... ? कित्याखातीर ?

आयज हांवें म्हज्या काळजाचो बीट आयकलो देखून...

ताणें म्हजो हात आपल्या हातांत घट्ट धल्लो आनी तें तो रेवेंत पुरूंक लागलें....

१४

लिडिया लव्ह !

तुजी चीट मेळ्ळी.

तूं आमगेर येवपाचो यत्न करूं नाका. त्या खातीर तुवें चीट बरयली हें बरेंच केलें. हां ! हांव सांजचो केन्नाच घरा आसना....म्हाका घरा रावपाक वाज येता. इश्कोलांत येवन म्हाका कोणेय मेळप हें बरें दिसना. हांव तुकां मेळपाक एक दीस कळंगुटे येतलों...केन्ना तें मागीर कळयतां.

तुजो धवल

आयज जॉर्जीक मेळपाक जाय....तो म्यूजीक सुंदर वाजयता. तो गिटार वाजयता तें म्हाकां आयकपाक जाय.

लिडियान म्हटलेलें गाणें ताका वाजोवपाक लावपाक जाय.

तो तें गाणें वाजयताना भितल्ल्या भितर तें म्हाका म्हणपाक जाय.

बेहोश जावपाक जाय.

आयज शाळेंत वचपाक नाकाशें दिसता;

क्यॅजुअल बरोवन भावाकडल्यान शाळेंत धाडची दिसता.

जॉर्ज सांजचो मेळटलो.

सकाळचो आदेस वाज येतलो.

ना, हांव शाळेंत वयतांच.

तितलोच वाज ना जातलो...

१५

आयज म्हयन्याची पंदरा तारीख.

आजून पगार जांवक ना. क्वॉर्टली.

पसरकारान म्हयन्याच्या बिलाविशीं करांदाय केल्या.
म्हाका पणजे वचचें आसलें. पुण हांव वचूंक ना.
बोल्सांत पयसोय ना.
पसरकाराचो राग येता...आमी ताका वेळार पयशे दितात. पयशे
डटा तशे...सरकारी पगार...वेळार मेळना आनी पसरकाराली तापोवणी...
रकाराक हें केन्नाच कळपाचें ना.
असल्यो गजाली सरकाराक केन्नाच कळना.
कळोंक ना...
हें कळटा त्या दिसा दुसरेंच सरकार आसतलें.
बरें, पगार मेळना जातकूच आमी सरकाराचेर घुसमुसता. पसरकार
ामचेर घुसमुसता.
सगळ्यो गजाली वेळच्या वेळार जावच्यो हाचें धंगण कोणाकूच ना.
ा सगळ्या गजालींक लागोन घुस्पगोंदळ जावन परिस्थिती जाता तितली
ड ताणची असोच बी बेत आसता काय कितें ?
चल्लां परा चल्लां.
म्हज्यान घरा रावों नज...सांज व्हड जाल्या...
हांव शिरदोना वतलोंच...थंय दर्या आसा...
दर्यार बसपाक बरें दिसता...माडांचे सांवळेंत...दर्याचे गाजींत.
चुडटांच्या सळसळांत...आनी म्हजेच यादींत...
साडेआठ जालीं तरी म्हाकां घरा येवचें ना...
कोणाचकडेन उलवचें ना...
कोणाचेंच कांय आयकपाचें ना.
कोणाकूच कांय सांगपाचें ना...
दोळे धांपतकीच काळोख बेगीन जाता.
पुण साडेआठ बेगीन जायना...

१६

कोलवेंची वेळ.
म्हज्या मुखार मार्था...
आयज मार्था मोतयाळें दिसता.
ताचे दोळे उलयतात.
ताचें आंग रसरसता.
ताचीं बोटां सळसळटात.
ताचे वोंठ लसलसतात.

मार्था.
तुका चीट पावली ?
हांव आज दनपारां घरा पावोंक ना.
कितें सांगपाक जाय...पळय...कोणाक सांगचोना ?
ना...सिक्रेट...?
हय...कानांत सांगपाची...
सांग.
फाल्या सांजेवेळा सिवील रेजिस्ट्रारांत वचून लग्न लागपाचें थारलां.
कॉंग्रेटस...
दर्याच्या किर्णान सबंद दर्या लख्ख जावचो तशें मार्था लख्ख जालें... दोगांयचेय हात एकामेकांक घट्ट मेळटात.
कॉंग्रेटस मार्था...कॉंग्रेटस...सांग आतां, कितें सांगता....कोक काय फांटा ?
म्हजी मार्थाविशिंची इत्सा पूर्ण जायत येता...मार्थाचो घोव बरो आसूं...

१७

सपनांत कितें घडटलें तें कळना.
कित्याक तें सपन ?
जिवितांत कितें घडटलें तेंय कळना.
कशें... ?
हाचो विचार करप बरोबर न्हय.

एक दीस कोंबयेन पिलां काडलीं.
सात-आठ दीस जातकूच एके रातीकडेन भावक्यान कोंबयेक व्हेली.
पिलांनी आकांत केलो.
दुसऱ्या दिसा पिलां बावडीं पिशीं कशीं बोब मारीत भोंवलीं.
तांच्या हुयेलिंचीं म्हज्या दोळ्यांत दुकां जालीं.
मागीर सांजवेळचीं तीं पयस पयस बसलीं, बावडीं कशीं.
व्हडपांतल्या पोरायेचो दांडारो पडलो...
तशीं सगळीं एकठांय जावन एकामेकांच्या पाखांनी घुस्पूंक लागलीं.
तेन्ना म्हजें मन कोंबी जालें.
तिसऱ्या दिसा सकाळींच तांकां आसूक आयलें. तांचे दोळे धांपले.
उकते जांवचे... अशे धांपले.
दिसाक एक, अशें एकान एक पील ना न्हपय जालें.

सपन काबार जालें.
केन्नाच चितूंक नासलेलें...

भावान पेपर द्दाडून दिलो.

तो घेवन हांव बाजयेर पडलों. बाजये सकल एक कागदाची गुड्डी पडलेली ती वोगीच काडली....चुरलेलो कागद सारको केलो...सकल निशाण आसली...तुजें मार्था ..आजूच म्हाका चीट आयली तिची ही दशा !...राग येयलो. पुण मनांतल्या मनांत रिचोवन हांवें चीट पळयली.

डियर

माय डियर धवल

रजिस्टर सिवील जालां खरें पूण म्हज्या आंगार एक व्हडलें संकश्ट आयलां. न्हवरो फ्रांसाक आसपो. एकदम बरो खंय...सांगलेली गजाल...कालच खबर मेळ्ळ्या कि ताका दोगी बायलो आसात आनी भुरगीं आसात. धवल, हांव सामकें त्रासांत पडलां. इतलो तेंप रावोन खंयचें हे भानगडींत पडलें...ह्या तेंगार हें जंवजाळ म्हाका न्हू आसलें... तरी बरें रेस्पेर बी जांवक ना म्हण...आतां म्हाकां कांयच सुचना... सगळो लोक...जग...खांवंक येता शें दिसता....जिवितान मांडलेलीं म्हजीं फकाणां म्हाकां फापशितात. तुका ही चीट मेळच्या पयलींच म्हजें कितेंय जाल्लें कळत...आयकूंक येत...आमचो निर्मळ मोग लोकांच्या मनांतले दुबाव ना करूं....

तुजें मार्था...

चीट तशीच उडोवन हांव बाजयेर लंवडलों...

कितेंच येवजनासलें.

ताका बरो घोव मेळचो म्हूण....हांवें प्रार्थना करूंक नासली. म्हणून बी अशें जालें काय? हांव प्रार्थना केन्नाच करिना....

हांव ताज्या खातीर कितें करूंक शकतां...?

इतल्यांत भाव पेपर व्हरपाक आयलो...

आरे. पेपर म्हाका जाय...म्हाका नाका आसताना हांवें पेपर हेवटेन तेवटेन चाळ्ळो...

फाटल्या पानार खबर.

मार्था डिसोजान बांयत जीव दिलो...

हावें फुडें वाचूंक ना.

म्हजें काळीज धडधडटा...

म्हज्या मुखार काळ्या लोकांच्यो दोन व्हडल्यो लायनी लागल्यात. तांतूंत हांवूय आसां...

मार्थाची धवी फुल्ल कास मदल्यान चलता...

१९

टक टक...हावें दार वाजयलें.

कोण ?

हांव आयलां.

दार उक्तें जालें. मुखार बाबूय उबो आसलो. म्हज्या तोंडाक वास येतालो.

आरे, वरां कितलीं जाल्यांत ?

साडे इक्रा.

खंय आसलो तूं ?

मार्थाच्या इंतेराक.

मार्था कोण ?

जाच्यो चिटयो फोडून तुमी वाचताले तें....

बरें जालें...

बरें जालें...कित्याक ? मेलें देखून...तुमकां कशें कळचें...? तुमकां कळना तेंच बरें....म्हाका समजना, तुमकां अशें कित्याक दिसता तें... म्हाका आजून दुबाव पडटा कि मनशा–मनशाचें नातें तुमकां कळटा काय ना...

हय तर, तुका समजता तें पुरो...आनी आयज हें फेस्त शें रे...?

आयज म्हाकां कांयच येवजना.

आयज म्हाकां साप वाज येता....

तूं जेवतलो रे ?

ना...आयज म्हाकां कांयच नाका....

हांव न्हिदतां...म्हाका न्हीद येता...

हांव बाजयेर पडलों... तो न्हिदपाक गेलो...

मार्था...,

आयज तूं संवसारांत ना.

आयज तूं म्हाकां दिसचें ना.

आयज तूं कोणाकूच दिसचें ना...मार्था, म्हज्या सगळ्या आंगांतल्यान तुज्या नांवाचो हुंकार येता...

दोळे भरोन येता...

दुकांचो हुंवार व्हांवता.

उशें लेगीत रडटा...

मोट्यान, मार्था...अशी बोब मारची दिसता...

मार्था...
मा...र्था...
मार्था...

२०

दोळ्यांच्यो अस्कडयो केन्ना बंद जावन केन्ना केन्ना उक्त्यो जातात तें केन्नाच कळना.

दीस जावन रात केन्ना जाली हाचोय हिशोब म्हाकां खबर ना.

मार्था गेल्या उपरान्त म्हजेर केन्ना केन्ना भार येता...

एकेक दीस तर हांव सामको मोनो जातां.

म्हाकां कोणाSSच कडेन उलोवपाक नाका आसता.

कोणूय उलयल्यारूय म्हाकां राग येता...

आयज मार्था वचोन कितले दीस जाल्या हेंच खबर ना...

मार्था आयजच गेल्ल्या भशेन दिसता.

मार्था

एक दीस मार्थान म्हाकां पिकनिकेक व्हेलो...कळंगुटे...

म्हजो मूड आदींच ऑफ आसलेलो...

तरीय हांव गेल्लों...

त्या दिसा मार्थाच उलयतालें...

दनपार जायसर तें उलयतालें...वाज येयनासतना...

तें कितें सांगता तें म्हाका कांयच कळनासलें. हांव नासलोंच कळंगुटे...

कळंगुटे...आनी आसलोंय...

सगळे लोक जळामळा बसले. कॅजुरिनाच्या झाडांचे सावळेक...

माथ्यार दनपार रखरखताली...

आमीय कॅजुरिनाच्या झाडांचे सावळेक माथ्यार घालून बसलेलीं...

सांवळी झिरझिरीत पामरेभशेन...काफये कोराचे...

आमकां सावळी करपाखातीर कॅजुरिनाच्या झाडांनी सूर्य माथ्यार घेतलेलो...खदखदीत...

हांव ताच्या शेजरा बसलेलों....

म्हाका खूप भूक लागलेली...

मार्थी टिफीनांतल्या खावपाच्यो वस्तू म्हाकां काडून दितालें...

म्हजी नदर बारीकसाणीन ताका तेळटाली.

धवल !

हांव फकत हांसलों...

हांवें फकत दोळ्यांक दोळो दिलो.

धवल...

ताच्यान रावोंक जायनासलें...ताणे टिफीन थंयच दवल्लें...आनी म्हजो हात घट्ट धल्लो...

धवल...

हांवेंय ताचो हात घट्ट धल्लो...

धवल...

अं...

तूं उलयना कित्याक...?

कितें उलंव...? पळय...तुका कळना जायत...

फकत तूंच उलयना...

तुजे दोळे उलयतात...अस्कड्यो उलयतात.

तुजे वोंठ.
तुजो अळंग हात लावपी हात....
तुजो सगळो देहच उलयता...
तुज्या वांगडचो हो वाठारूय उलयता...
ह्या सगळ्यांक जाप कसो दिवं...?
मार्था...
म्हाकां फकत एकूच तोंड...
जण एकल्याचे कितलेशेच प्रस्न आसतात...
केन्ना केन्ना जाप दिवं...
कशी कशी जाप दिवं...
कितें कितें जाप दिवं...

मार्था...
एक विचारूं...मार्था म्हाका दिसता...
कितें दिसता...?
दिसता ह्याच वेळार...हो हात तुज्या हातांत आसतनाच उडोन वयचें...
पिशेपणां...
ना....खऱ्यांनीच...
हट....
पयस...नदरे भायर...जिविताचे धारेभायर...
धवल ! ताचे थरथरलेले जापेंत हुंवार आसलो...
धवल, अशें उलोवंक जायना...
मार्था...
आगो, हे सगळे संकेत कित्याक ? म्हाका दिसलें.
हांवें तुका सांगलें...
तुका हांवें जगचें अशें दिसता...हें हांव जाणां....

हट...मातशीं पिशेपणां पुरो कर पळोवया...

मार्था...तूं लागीं नासताना अशें कितें जायत जाल्यार तुकां बरें दिसतलें ?

ताणे म्हज्या तोंडार आपलो हात दवल्लो...

आतां तुवें उलोवप बंद...

आतां तुवें फकत खावप...

हांव जाणां तुकां भूक लागल्या म्हूण हें उलवप...भुकेर...

ताणे म्हाका खावपाक दिलें...

जाता मुगो...

ताणे परत म्हज्या तोंडार हात दवल्लो...

खावप....हें भुकेवयलें...उलवप...मातसो कळाव जाला म्हूण मरे...?

हांव फकत खायत रावलों...

तेंय...

आमच्या मुखार पाचवोच...निळसोच...दर्या...

कळंगुटचो निळोशार दर्या कॅजुरिनाच्या झाडांमदल्यान आमकां हांसतालो...तें कोणाक खबर नासलें...

मोवशार रेंवेर...कळनासतनाच कातुल्यो करपी...पायांच्या तळव्यांक... गुदू....कुतू...करपी रेंवेर...मळबाच्या आनी सुर्याच्या पेजान चेपपी कॅजुरिनाच्या झाडांपोंदचे सावळेंत...आमी...

मार्था...

तें हांसलें....कितें... ?

हांव मातसो ता ता करूं ... ?

कर रे म्हजो...बाबुलो...

बाबुलो न्हिदलो...

सांज जायत येताली....

मर्दी मातसो हांव जागो जाल्लों...मार्था थंयच बसलेलें...तें एक पुस्तक वाचतालें...हांव परत न्हिदलों...

......

बरोच वगत जालो आसतलो...

म्हाकां झाडार परतल्ल्या शेवण्यांचो... च्युंयक.... च्युंय... आवाज आयकुपाक येतालो...

ध... व.... ळ....

मार्थाचो काळीज घुसळावन येयल्लो... आवाज...

म्हजे दोळे मात धांकलेलेच...

मार्थाचे वोंठ... म्हज्या कपलार...

हांव वोग्गी रावलों...

मार्थान आपले वोंठ म्हज्या कपलावयल्यान काडले...

हांवें फकत दोळे उकते... केले...

मार्था हांसलें...

आनी... आनी मार्था... म्हज्या मुखावयल्यान कापसाचो पुंज उडचो तशें उडोंक लागलें...

मार्था...

बाय... धवळ...

मार्था पयस पयस वयतालें... तें हात हालयतालें...

बाय... धवळ.... बाय...

मार्था... हांव आड्डलों...

बल्कावात बसलेलो म्हजो भाव म्हाकां हांसतालो... हांव उठलों... मुस्तायकी घालून पांय फुट्टा ते वाटेन चलोंक लागलों... वाटेक...

वाटेक पिशें लागलेलें...

२१

आयज लिडियाक मेळपाकूच जाय...त्याखातीर चीट बरवप हें चूक... हे काय उबाळांचे दीस न्हू...गाडयोय मेळटा जाय तशो...

टक...टक...

कोण जाय... ?

लिडिया आसा ?

ना...तीन म्हयन्यां फाटीं ताची मांय भायर पडली...आनी सुमार दोन-तीन म्हयन्यांनी ताचो पाय आनी तें जर्मनीक गेलीं.

कित्याक ?

आमकां खबर ना....

तूं कोण ? तुजें नांव कितें ?

धवल...कित्याक...?

राव आं... तुका दिवपाक एक चीट दिल्या लिडियान.

हांवें फाटीं वळोन दर्याक पळेलें ...दर्यार वोत चकचकतालें, मळब लींप आसलें.... रेंवेचो धगय मारतालो मातसो... म्हजे दोळे भरोन येतासो भास जालो....

ही घे चीट...

थँक्स...येता हांव.

मेन्शन नॉट.

हांव भायर सल्लों...रेंवेतल्यान चलतां चलतांच चीट फोडली...चिटयेंत कांयच नासलें....फकत एक फोटो...ताचो...लिडियाचो...फाटल्यान एक नोट बरयल्ली "म्हाकां विसरूं नाकां." म्हाका दिसलेलें एक चीट आसतली मोट्टी ..म्हजेर राग काडपाचीं...पूण तशें कांयच नासलें ..हाचेंच चड पिकासांव जालें. तशें बरयल्यार मातशें बरें दिसतलें आसलें...

लिडिया...

दर्यार त्याय वोतांत बसलों...आनी हांवें हात म्हजो मुंगरलो रेवेंत ...ताणे म्हजो हात...लिडियान म्हजो हात आपल्या हातांत घेतला ही साक्षात्कारी कल्पना केली.

लिडिया...,

आसा थंय तूं बरें....आसूं...

लिडिया...पिशें लिडिया...

२२

म्हाकां दिसता मार्था ह्या संवसारांत आसूंक जाय आसलें...

म्हाका दिसता लिडिया म्हज्याच लागसरा आसूंक जाय आसलें...

तांकां लागोन म्हज्या जिविताक मातसो बांद पडलो...अशें म्हजें मत...न्हू, खरेंच तें...

ना जाल्यार हांव आसां तोय उरचों नासलों...

तसो हांव आतां खूपसो ल्हव जालां.

दोगांयनीं म्हाकां सपनांचो गांव दिला...

बापायन ल्हानसो पसरो घातला-
तो म्हजो अर्दो खर्च वांचेयता.
भाव नोकरी करता.
भयणीन मिशीन घेतलां...
तेंय कितें करता...
हेरूय भाव हातपांय हालोवंक लागल्यात.

घराचे वणटीर चुनो चडला...रंग चडला...दारांक नवें लाकूड येयलां....घरांत लायट येवपाची आसा...तरी सांजेवेळचो घरांत रावपाक म्हाकां वाज येताच. सपनांचो गांव आसून लेगीत...

ह्या सगळ्या वेळाच्या बोवाळांत....लिडियाच्यो एकदोन चिटयोय येयल्यात. जर्मनीक सावन ... थंय एकदम बरें म्हणटा तें ... ताणे म्हाकाय आपयला...

हांव ल्हव जालां.

हांव ल्हव जालां आनी तरी म्हाका ह्या संवसाराचें नवल दिसता. थंयच आसा....

२३

संवसार धुंवता काय व्हांवता...?
जिवीत धुंवता काय व्हांवता....?
कोण म्हणटा :
संवसार व्हांवता
जिवीत व्हांवता

मनीस व्हांवतात
वरसां व्हांवतात
सगळें व्हांवता.

असोच व्हांवता आसताना मार्था मेळ्ळें...
असोच व्हांवता आसताना लिडिया मेळ्ळें....
थोडे दीस आमी सांगातान व्हांवलीं.
मदींच खंयतरी तीं दुसरे वाटेन व्हांवपाक लागलीं...
सांगात सुटलो...
आतां दुसरे वटेन तीं गेलीं... काय हांव गेलों....?
तें हांव नकळों...
हांवें मदींच म्हटलें...तें खऱ्यानींच मदीं काय खंय तें हांव नकळों...
कित्याक तर जुस्त व्हांवपाक खंय मुदलता...तेंच पयलें तोंक...तेंच मुदलाचें तोंक अशें दिसना...
म्हणटकूच जाता तें सगळें मदल्या मदींच...
आमी मदींच व्हांवपाक लागप...
आनी मदींच व्हांवचें थारप...
तशें पळयल्यार व्हांवप म्हणटा तें दोन वस्तीं मदल्यानूच...
ना जाल्यार तें व्हांवप उरचें ना...
हांवय व्हांवत व्हांवत व्हड जायत आसां....

२४

बरींच वरसां जाल्यांत.

भयणिचें लग्न जालां. तिगेर भुरगेंय जालां....भावाचें लग्न जालां... म्हजे केंस पिकत चल्ल्यात...

म्हाकां मार्थाची याद येता....

बाबा केन्नाय म्हज्या लग्नाची याद काडटा...

लिडियाची चीट येयल्यार खूप...तेंप जाला...

हांव...

म्हाकां हांसपाक येता...

हांव हांसतच सपनांचे गांव भोंवतां...

* *

मोल रु. ४-००

आयर्ची प्रकाशनां

प्रसादाफूल
तुळशी
गांथन
वेळेवयल्यो घुलो
आशाढपांवळी
बापू
भजगोविन्दम
वासवदत्ता
पैगंबर
ओली सांज
अुजवाडाचे सूर
संशयकल्लोळ
सालोमे
सूड
स्मगलर
मुक्ती
मोनी व्यथा

फायर्ची प्रकाशनां

अच्छेव
विराट
सांगाती
हिमालयांत